**हरवळे ग्रामपंचायत वेंचणूक**

**सोऱ्याची विक्री, येरादारी आनी लागी बाळगुपाचेर निर्बंध**

ता. 15 ऑक्टोबर 2024

उत्तर गोंयच्या दिवचल म्हालातल्या हरवळे ग्रामपंचायत वेंचणूकेच्या फाटभुंयेर वित्त खात्यान (महसूल आनी नियंत्रण) हरवळे ग्रामपंचायत क्षेत्रांत मतदान आनी मतमेजणीच्या काळामेरेन म्हळ्यार ता. 19, 20 आनी 21 ऑक्टोबर 2024 दिसा सोऱ्याची विक्री, येरादारी आनी लागी बाळगुपाचेर निर्बंध लागू केला. वयल्या दिसांनी हरवळे ग्रामपंचायत क्षेत्रांतली सगळीं सोऱ्याची दुकानां आनी आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश दिला.

तशेंच वयल्या दिसांनी हरवळे ग्रामपंचायत क्षेत्रांत खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

बार आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार काऊंटर बांद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/573

--
----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.